# <u>फाल्या 21 मे क आतंकवाद विरोधी दीस</u>

ता. 20 मे 2024

भारताचे आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांची पुण्यतिथ 21 मे 2024 दिसा "आतंकवाद विरोधी दीस" म्हूण पाळपात येतलो. आतंकवाद आनी हिंसाचाराच्या घडणूकांक लागून सामान्य लोकांक जावपी दु:ख आनी अशों घडणूको राष्ट्रहिताक कशो बाधक थारतात हाची जाणीव करून लोकांक आनी खास करून तरणाट्यांक आतंकवाद आनी हिंसाचारा पासून पयस दवरप हो ह्या दिसाचो उद्देश आसा.

आतंकवाद विरोधी दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर सचिवालयात आयोजीत कार्यक्रमात मुख्य सचीव हे सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या फोटवाक फुलांहार घातले आनी सचिवालयातल्या कर्मचाऱ्यांक आतंकवाद विरोधी सोपूत दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/229

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.